**राज्यपालाकडल्यान ज्ञानपीठ पुरस्कार मेळोवपी श्री. मावजो हांचे अभिनंदन**

ता. 8 डिसेंबर 2021

गोंयचे राज्यपाल श्री. पी. एस. श्रीधरन पिल्लई हांणी आयज भारतीय साहित्य क्षेत्रांतल्या उत्कृश्ट योगदाना खातीर 2022 वर्साचो 57 वो ज्ञानपीठ पुरस्कार फावो जाल्लें श्री. दामोदर मावजो हांच्या माजोर्डा हांगाच्या घरा भेट दिवन साहित्य क्षेत्रांतलो सर्वोच्च असो ज्ञानपीठ पुरस्कार मेळोवपी श्री. दामोदर मावजो हांचे अभिनंदन केलें. कोंकणी साहित्याखातीर हो पुरस्कार मेळोवपी श्री. मावजो हे दुसरे साहित्यीक आसात.

राज्यपाल हे स्वता 135 पुस्तकांचे लेखक आसून तांणी आपली कांय पुस्तकां श्री. दामोदर मावजो हांकां भेटयली आनी श्री. मावजो हांची कांय पुस्तकां आपणे घेतली. ह्या वेळार तांणी दोगांयनी फळादीक चर्चा केली.

विरोधी पक्ष फुडारी श्री. दिगंबर कामत हेवूय ह्या वेळार उपस्थित आशिल्ले.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2021/1023

--

Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji